**<u>गोंय कल्याणकारी राज्य जावपाचे उद्‌दीश्ट साध्य करपाक कटीबद्‌द आसा- श्री. पिल्लई</u>**

ता. 26
जानेवारी 2022

गोंय कल्याणकारी राज्य जावपाचे उद्‌दीश्ट साध्य करपाक कटीबद्‌द आसून जे वरवीं प्रत्येक नागरिकाच्या कल्याणाखातीर अन्न, आसरो, भलायकी आनी शिक्षणाची खात्री आसतली, अशें गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी आयज कांपाल परेड मैदानाचेर आयोजीत राज्य पावंड्यावयल्या प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात जनतेक उद्‌देशून उलयताना सांगलें.

राज्यपालान फुडें म्हणलें, राष्ट्राची अखंडताय आनी सार्वभौमत्व सांबळप प्रत्येक नागरीकाचे कर्तव्य आसा. आतामेरेन आमच्या संविधानात अनेक बदल जाल्ले आसले तरी देशाची अखंडताय सांबाळून दवरिल्ली आसा. आमचे संविधान एक मजबूत आनी सर्वसमावेशक दाखलो आसा, जो विविधतायेत देशात एकजूट राखून दवरपाक सक्षम आसा.

नेताजी सुभाषचंद्र बोस हांच्या 125 व्या जयंती दिसा 23 जानेवारी हो दीस "पराक्रम दिवस" म्हूण घोशीत करपाच्या निर्णयाचेर राज्यपालान खोशी उक्तावन हो दीस युवा पिळगेंक आमच्या राष्ट्रा खातीर कार्य करपाक प्रेरणा दितलो, अशें म्हणलें.

गोंयची सैमीक सोबितकाय, संस्कृती आनी सरबराय राज्याच्या पर्यटनाक व्हड योगदान दिता. कोवीड म्हामारीक लागून पर्यटन वेवसायाचेर वायट परिणाम जालो, पुण म्हाका खात्री आसा, की ही परिस्थिती सुदारून पर्यटन मळार बरे दीस येतले, अशें तांणी म्हणलें.

राज्यांत नवे सरकार घडोवपा खातीर 14 फेब्रुवारी 2022 दिसा गोंय विधानसभेची वेंचणूक जावपाची आसा. आमचे संविधान तयार करप्यांनी आमकां मतदानाचो हक्क दिला. हो मतदानाचो हक्क बजावप हे प्रत्येक नागरिकाचे कर्तव्य जावन आसा. गोंयच्या मतदारांनी कसलोच भय न बाळगीता आनी पक्षभेद करीनासतना तशेंच कोवीड शिश्टाचाराचे पालन करून आपलो मतदानाचो हक्क बजावचो, अशेंय राज्यपालान म्हणलें.

राज्यांत 15 ते 18 वर्सां पिरायेच्या भुरग्यांसयत गोंय राज्यांतल्या 98 टक्के पात्र लोकांचे पुराय वासिनीकरण जाला आनी 60 वर्सां पिराये वयल्या लोकांक बुस्टर डोज दिवपाचे सुरू आसा, अशें सांगून राज्यपालान कोवीड-19 म्हामारीतल्यान लोकांक वाचोवपाखातीर मोलादीक सेवा केल्ले सगळें दोतोर, भलायकी कर्मचारी आनी फ्रंटलायन

वर्करांचे अभिनंदन केले. राज्यपालान गोंय राज्यान मानवी विकासाच्या मळार केल्ल्या उदरगतीचीय तोखणाय केली.

सुरवातीक राज्यपालान राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन मानवंदना दिली आनी संचलनाची पळोवणी केली.

राज्यपालान पुलीस अधिक्षक सॅमी तावारीस, पुलीस निरिक्षक दत्ताराम राऊत हांचो राष्ट्रपती पदक भेटोवन सन्मान केलो. नागरी उड्डान संचालक डॉ. सुरेश शानभोगे आनी सचिवालयातले सुरक्षा अधिकारी सेबेस्त्यांव एम. गुदिन्हो हांचोय उत्कृश्ट सेवेखातीर सत्कार केलो.

सुवाळ्याक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, केंद्रीय पर्यटन राज्यमंत्री श्रीपाद नाईक, प्रथम महिला श्रीमती रिता पिल्लई, मुख्य सचीव परिमल राय, हेर सरकारी सचीव, अधिकारी आनी संरक्षण विभागांचे अधिकारी उपस्थित आशिल्ले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/74

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji